आकाशवाणी पणजेच्या

**राष्ट्रीय खबरो**

Panaji National

23th February 2026 **6:30** am

हालींच नवी दिल्लींत जाल्ल्या इंडिया एआय इम्पॅक्ट शिखर परिषदेची प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तोखणाय केल्या. इतिहासीक शिखर सभेंत भारताच्या क्षमतायेची संवसारीक पातळेचेर व्हड प्रमाणांत तोखणाय जाली. तंत्रगिन्यानाच्या मळार भारतांतल्या तरणाट्यांच्या दूरदर्शी मानसिकतायेक लागून मनीसजातीक व्हड फायदो जावंक शकता हें तातूंतल्यान दिसून येता अशें आयज सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला.

केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी नवी दिल्लींतल्या भारत टॅक्सीच्या चलकांकडेन उलप केले. भारत टॅक्सी सहकारी संस्था वाहन चालकांक तांच्या कामाची मालकी दिवन सशक्त करतली. खाजगी टॅक्सी सेवा कंपनीं कडेन संबंदीत आशिल्ल्या समस्यांचेर थांबो हाडून वाहन चालकांक फायदो दिवपाचेर ह्या उपक्रमांत भर दिला अशें तांणी विडिओ मध्यमावरवीं सांगलें.

हो उपक्रम वाहन चालकांच्या कल्याणाखातीर आनी प्रवाशांच्या सुरक्षे खातीर एक माची थारतलो. तशेच 'भारत टॅक्सी' ही सहकारी टॅक्सी सेवा संवसारांतली सगळ्यांत पारदर्शक कॅब सेवा जातली अशें तांणी नदरेक हाडलें

परंपरेन सणाच्या वेळार भांगराचे दर वाडटात पूण आजून कसलीच भांगराच्या दरांनी मर्यादा हुंपूंक नाशिल्ल्यान सरकार बारीकसाणेन नदर दवरून आसा अशें आयज नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेन्त उलयताना अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें.

आयज नवी दिल्लीच्या राष्ट्रपती भवनांत राजाजी उत्सव मनयतले. राष्ट्रपती भवनांतल्या एडविन लुट्यन्स हाच्या पुतळ्याच्या जाग्यार स्वतंत्र भारताचे पयले भारतीय गव्हर्नर जनरल सी राजागोपालाचारी ह्यांच्या पुतळ्याची स्थापना जातली, राजाजी उत्सवा वेळार 24 फेब्रुवारी ते 1 मार्च मेरेन सी.राजगोपालाचारी हांचेर प्रदर्शन जावपाचे आसा.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल आपल्या मन की बात कार्यावळीच्या 131व्या भांगांत राष्ट्रपती भवन परिसरांत सी राजगोपालाचारी हांच्या पुतळ्याचें अनावरण करपाची घोशणा केली.

पाकिस्तानान अफगाण प्रदेशाचेर केल्ल्या हवाई हल्ल्यान बायलां आनी भुरग्यां सयत अफगाणी नागरीकांक मरण आयलां.

पाकिस्तानान अफगाण प्रदेशाचेर केल्ल्या हवाई हल्ल्याचो भारतान खर निशेध केला, हे संबंदी माध्यमांनी केल्ल्या प्रस्नाक जाप दितना – अफगाणिस्तानाची प्रादेशिक अखंडताय आनी स्वातंत्र्याखातीर भारताचो तेंको आसा अशे विदेश मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जैसवाल हांणी सांगलें

**खबळ**

काल रातीं अहमदाबादाच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर जाल्ले ICC दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वकरंड सरतींत भारत दक्षिण आफ्रिके आड खेलटाणना 76 धांवड्यांनी हारलो.

टेनिसांत दुहेरी सर्तींत, भारताच्या सिद्धांत बंथिया आनी बल्गेरियाच्या अलेक्झांडर डोंस्कीन हाणी शेनवारा भारताच्या निकी कालियांडा पूनाचा आनी थायलंडच्या प्रुच्या इसारो हांकां हारोवन जैत जोडले.

**हवामान**

भारतीय हवामान खात्यान फुडले दोन दीस ओडिशा आनी अंदमान निकोबार वाठारान्त गडगड, वीज वादळी वारें येवपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच आयज छत्तीसगड, तेलंगणा, विदर्भा, आसाम, मेघालयात गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. उदेंत मध्य प्रदेश आनी अस्तंत बंगालात ह्या दिसा खातीर अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, वायव्य भारतांत फुडल्या स दिसांत चडांत चड तापमान तीन ते चार अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले - फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर